# गिरायक सुरक्षा मंडळाची बसका

ता. 10 ऑक्टोबर 2017
19 कार्तिक 1939

उत्तर गोंय जिल्होधिकारी श्रीमती निला मोहनन हांच्या अध्यक्षतेखाला आयज जिल्होधिकारी कार्यालयात उत्तर गोंय जिल्हो गिरायक संरक्षण मंडळाची बसका जाली. बसकेक केंद्र आनी राज्य सरकारी खात्याचे प्रतिनिधी हजर आशिल्ले. बसकेत लोकांच्या वीज, उदका पूरवण, इंटरनेट, केबल सेवा, पोस्टल सेवा आनी हेर कागाळीचेर भासाभास जावन अशा कागाळीचेर संबंदीत खात्यावतीन केल्ल्या कारवायांचो नियाळ घेतलो. ज्येश्ठ नागरीकांनी बसकेमूखार आपल्यो कागाळी मांडल्यो. जिल्होधिकाऱ्यान लोकांच्यो कागाळी बेगीनात बेगीन सोडोवपाचो संबंदीत अधिकाऱ्याक आदेश दिलो.

नागरी पूरवण आनी गिरायक वेव्हार खात्याच्या सहकार्यान आयोजित केल्ल्या बसकेक गोवा कॅनचे समन्वयक श्री. रॉलांड मार्टिन्स, उत्तर गोंय जिल्हो गिरायक संरक्षण मंडळाची वांगडी श्रीमती अमिता नायक सलत्री आनी ज्येश्ठ नागरीक हजर आशिल्ली.